<u>प्रादेशिक खबरो</u>

30.१२.२०२५ 7.20 pm

- गोंयच्या तिसऱ्या जिल्हयाची अधिकृत घोशणा फाल्या जातली,
- तिसऱ्य जिल्हायच्या स्थापणुकेविंशीअहवाल जाहीर करिनासतना सरकार फुडें वता असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला
- णव्वो आदिवासी खेळा महोत्सव 9-11 जानेवारी आदर्शग्राम काणकोणा आयोजित जाता
- उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीच्या अध्यक्षपदाचेर रेशमा बांदोडकार जाल्यार उपाध्यक्ष पदाचेंर नामदेव च्यारी हांची बिनविरोध निवड जाल्या

Rashmi 100

गोंयच्या तिसऱ्या जिल्हयाची अधिकृत घोशणा फाल्या जातली, तिसऱ्या जिल्हाचे नांव फाल्या उजवाडायतले. ह्या जिल्हाचे मुख्यालय केपे म्हालात आसतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ह्या जिल्हाच्या स्थापणेकेविंशी आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला पर्वरे मंत्रालयात सर्व पक्षीय फुडाऱ्यांची बसका जाली. तिसऱ्य जिल्हो ह्यानपयली गोंय सरकारान अधिसुचित केल्लो. ह्या जिल्हात धारबांदोडा, सांगे, केपे,काणकोण,धारबांदोडा,ह्या म्हालांचो आसपाव आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. निती आयोगाची स्थापणुक जाल्या उपरांत सरकाराच्यो येवजम्याचो लाव, तशेच सरकारी सुविधा, जनतेमेरन पावची म्हण जिल्हाची विबागमी करपाचो निर्णय जाला. हे फांयभुयेर देशात १२० नवे जिल्हे स्थापन जाला. जाल्यार गोंयात तिसरो जिल्हो करपाच निर्णय जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

Rashmi/ ganesh 110

तिसऱ्या जिल्ह्याचेर आयज बसका जाली, पूण ह्या तिसऱ्य जिल्हायच्या स्थापणुकेविंशी नोव्हेंबर 2023 वर्साचो अहवालाची प्रत मागून लेगीत सरकारान आमका दिंवक ना ,आनी बद्द फाल्या सरकारा ह्य तिसऱ्या जिल्हायची घोष्णा करपाक सोदता असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला. विरोधकांनी हो प्रस्न मांडले उपरांत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी तो

दिवपाचें मान्य केला अशे युरीन सांगले. अहवाल जाहीर करिनासतना सरकार फुडें वता असो आरोप ह्यावेळार युरी आलेमाव हांणी केला. तिसऱ्या जिल्ह्याक काँग्रेसीचो विरोध जरी नासलो तरी ते विशीं अभ्यास जावप गरजेचें आसा. तिसऱ्या जिल्ह्याच्या अभ्यासा खातीर सरकारान समिती स्थापन केल्ली. हे समितीचो अहवाल सरकारान उक्तो करपाक जाय. अहवाल उक्तो करिनासतना ताकतिकेन तिसरो जिल्लो करप अयोग्य आसा, अशें विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी बसके उपरांत सांगलें.

सुभाष 90

राज्यातल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत शाळांच्या बस चालकांची आनी वाहकांची पुलीस पडताळणी करची अशें निर्देश शिक्षण संचालनालयान दिल्या. विद्यार्थ्यांच्या सुरक्षे संबंदात बाल हक्क आयोगान आखून दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचे पालन जावंचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी जारी केल्ल्या परिपत्रकांत म्हळां. बालरथ तशेंच भुरग्यांक हाड- व्हर करपी खंयच्याय बशीच्या चालकाची आनी मदतनीसाची पुलीस पडताळणी करून तो अहवाल शाळा मुखेल्यांनी सांबाळून दवरचो अशेंय ह्या परिपत्रकांत म्हळां. हो अहवाल गरज पडल्यार शिक्षण अधिकाऱ्यांक तपासा खातीर उपलब्ध करचो पडटलो. ह्या परिपत्रकात सांगील्या सगल्या नेमांचे पालन जावक ना जाल्यार त्या शाळांचेर कठोर कारवाय करतले अशी शिटकावणी शिक्षण संचालकांनी दिल्या.

Rashmi 120

णव्वो आदिवासी खेळा महोत्सव 9-11 जानेवारी आदर्शग्राम काणकोणा आयोजित जाता.बरे खेळगडे तयार जावचे म्हण ह्या महोत्सवाचे सेगीत आयोजन जाता अशी म्हायती खेळामंत्री रमेश तवडकार हांनी दिल्या. गोंयांत खेळ संस्कृती तयार जावपाक जाय अशे मंत्री तवडकार हांणी म्हणला. गोंयात उत्कृश्ठ अशे खेळगडे आसा, तांका माची दिपाखातीर ह्या महोत्सवाचे आयोजन करता. कबड्डी, खो-खो - होलीबोल . टेनिस क्रिकेट, तशेंच पारंपारीक खेळ लगोरी, विटी दांडु, रस्सी खेच, तशेंच हेर खेळाच्यो सर्ती जातल्यो. ह्या  पारंपारीक खेळांचे पुर्नजिवन जावचे हो मुखेल हेत ह्या महोत्सवाफाटल्यान आसा अशे मंत्री रमेश तवडकार हांणी सागंले. अंदु ह्या महोत्सवदरम्यान अखिल भारतीय़ पावंडयाचेरं रोड -रेसीचे आयोजन केला. 10 जानेवारी सावन ही रोड रेस आयोजित करतले. विद्यार्थी, ज्येश्ठ नागरीक ,

ह्या रोड रेसीत वाटो घेतलो अशी म्हायती मंत्री रमेश तवडकार हांणी दिल्या. ह्या महोत्सवात 1200 खेळगडी वाटो घेतले.

Rashmi 100

उत्तर गोंय जिल्हो पंचायतीच्या अध्यक्षपदाचेर रेशमा बांदोडकार जाल्यार उपाध्यक्ष पदाचेंर नामदेव च्यारी हांची बिनविरोध निवड जाल्या . निवड जाल्या उपरांत रेशमा बांदोडकार हांणी आयज अधिकृतरित्या पदाचो ताबो घेतलो. ह्यावेळार उत्तर गोंयच्य हेर जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी रेशमा बांदोडकार आनी नामदेव च्यारी हांका परबी दिली. अध्यक्ष पदाचेंर आपली बिनविरोध निवड केल्लया बद्द्ल उत्तर गोंयातल्या हेर वांगड्याचे रेशमा हिणे उपकार मानल्यात रेईश -मागुश पंचायतीच्य मतदारांचे आपणाक बरो तेको मेळ्ळील्या खातीर हाव आयज ह्या पदाचेरं पावला अशे रेशमा बांदोडकार हांणी म्हणला. जाल्यार नामदेव च्यारी हांणी भाजपा पक्षान आमचेर विस्वास दवरलो, तशेंच संद दिल्याबद्दल पक्षाच्या फुडाऱ्यांचे आभार मानला. होंडा वाठाराच्या मतदारांचे नामदेव च्यारी हांणी उपकार मानल्यात. भाजप पक्षाचे काम लोकामेरेन पावोवपाक काम करतले अशे ह्यावेळार ह्या दोनुय मानेस्तांनी म्हणला

Rashmi 110

गोंय हे आंतरराश्ट्रीय पर्यटन थंळ आशिल्लयान , नाताळाची परब, ३१ डिसेंबर म्हणल्यारुच सरते वर्स, १ जानेवारी नवे वर्साच्य फांटभुयेंर राज्यात पर्यटक व्हडा प्रमाणात येतात. ह्या काळात खबरदारी आनी सुरक्षितताये‌च्या फांटभुयेंर राज्यभरात कडक पुलिस बदोबस्त तैनात केला अशी म्हायती पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांणी दिल्या. हे शिवाय दिसाची तशेचं साजे आनी राती कडक पुलिस गस्त तैनात केल्या.१०० वयर वाठारांनी नाकाबंदी वरवी कडक पाळत दवरल्या टुरीस्ट पुलिस तशेचं कोस्टल सेक्युरीटी पुलिस ,एन्टी टेरेरिझम -स्कोड पुलिस फाटो कार्यरत केला. हे शिवाय किते दुबावित घडणुक घङली जाल्यार ताचेंर बारकायेन लक्ष, तात्काळ रिपोर्टींग आनी कारवाय, तशेंच कायदेशीक मजत पर्यटक वा गरजुक दिवपाखातीर पुलिस सज्ज आसात. येरादारी पुलिशेवरवी रस्ते येरादारीचेंर लक्ष दवरला अशी म्हायती तांणी दिल्या

सुभाष 90

गोंय शालांत मंडळाच्या २०२५ ते २०२९ ह्या कार्यकाळा खातीर 'ब ' गट वांगड्यांच्या रित्या सुवाती खातीर वेंचणूको जाहीर जाल्यात. ह्यो वेचणूको - ४ प्राचार्यांच्या पदाखातीर जांतूत दोन दक्षिणेतल्यान आनी दोन उत्तरेतल्यान , व्यावसायीक फाट्यातल्या शिक्षकां खातीर २ सुवाती , शिक्षक श्रेणी एक दक्षीण आनी उत्तर गोंयाखातीर एक- एक सुवात आनी शाळांच्या मुख्याध्यापकां खातीरच्या स सुवांतीचो आसपाव आसा. ५ जानेवारी २०२६ ह्या दिसा परवरे शालांत मंडळाच्या कार्यालयांत अर्ज भरपाची मुजत आसा त्याच दिसा सांजे अर्जांची छाननी जातली. ७ जानेवारी दिसा अर्ज फांटी घेवंक मेळटले. वेंचणूकेची गरज पडत जाल्यार हैं मतदान १७ जानेवारी २०२६ दिसा जातले

Dip 80

मेसर्स एनरिच ग्लोबल इन्फ्रा लिमिटेड, मुंबय 29 डिसेम्बर सावन शापोरा न्हंयच्या मुखाकडे गाळ काढपाचे काम करतले अशें सूचित केला.देखून शापोरा न्हंयत प्रवास करपी आनी ह्या वाठारांतल्यान वचपी सगळ्या जहाजांक ह्या सुवातेर आशिल्ल्या ड्रेजिंग यंत्र सामग्री पासून पयस रावपाचो सललो दिला. जहाजांचो वेग उणो करचो आनी गरज पडल्यार ह्या वाठारांत ड्रेजिंग काम करपी ड्रेजर, हॉपर बार्ज आनी तांच्या सहाय्यक बोटीं पासून सुरक्षीत अंतरार थांबचें, जाका लागून ह्या सांगिल्ल्या ड्रेजिंग कामांत तांकां कसलीच हानी जावची ना.संबंदीत सगल्यांक हाचे वरवीं निर्देश दिल्यात की सुचोवण्यांचें खरपणान पालन करचें.वयल्या नेमाचें उल्लंघन गंभीरतायेन घेतले.

परीक्षा पे चर्चा 100

परीक्षा पे चर्चा ह्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या कार्यावळीच्या ९ व्या आवृत्तीत विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशें आवाहन गोवा SCERT न केलां. परीक्षा पे चर्चा 2026 कार्यावळी खातीर ऑनलायन नोंदणी, 1 डिसेंबर 2025 सावन सरकारी अधिकृत पीपीसी पोर्टल innovate india1.mygov.in चेर सुरू आसा. 6 वी ते 12 वी मेरेन शिकपी विद्यार्थ्यांक, शिक्षक आनी पालकक ह्या कार्यावळींत वांटेकार जावं येता. शिक्षकां खातीर नोंदणी करप सक्तीचें आसा. परीक्षेचो ताण उणो करपाचे दिकेन प्रधानमंत्री नरेंद मोदी हांच्या ह्या म्हत्वाच्या कार्यावळीचो प्रचार आनी प्रसार करपा खातीर शाळांनी हेर अभिनव उपाय आपणावचे

अशें GSCERT न सुचयलां. ह्या सर्ती खातीर तारीख 11 जानेवारी 2026. मेरेन नोंदणी करूं येता.

पीएम-युवा 80

प्रधानमंत्री युवा लेखक मार्गदर्शन येवजणे खाला (पीएम-युवा 3.0) आयोजीत केल्ले सर्तीचे निकाल शिक्षण मंत्रालयान जाहीर केल्यात. हे आवृत्ती खाला 22 भारतीय भाशांनी आनी इंग्लीश भाशेंतल्या 43 पुस्तक प्रस्तावांची निवड केल्या. वेंचून काडिल्ल्या पुस्तक प्रस्तावांचें स म्हयन्यां खातीर नामनेच्या विद्वानांच्या मार्गदर्शना खाला पुस्तकांत रुपांतर करतले अशी म्हायती शिक्षण मंत्रालयान दिल्या. तशेंच दरेका वेंचून काडिल्ल्या लेखकाक म्हयन्याक पन्नास हजार रुपया शिश्यवृत्ती मेळटली आनी तांच्या प्रकाशीत पुस्तकाचेर 10 टक्के आजीवन रॉयल्टी मेळटली अशें मंत्रालयान सांगलें. पीएम-युवा 3.0 खाला पुस्तकांचो पयलो संच फुडल्या वर्सा प्रकाशित जातलो

स्पोर्ट्स 30

MCL T 20 क्रिकेट लीग सरतीत MCC थंडर पगडाण विजेतेपद पटकायले. ताणी MCC टायगर्साचेर 25 धावद्यांनी हार घाली.

गोयच्या 15 वर्सा सकयल्या चलयांच्या क्रिकेट पगडाची कर्णधार म्हण आर्या परब हाची नियुक्ती केल्या.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १८.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता